**चोर्ला घाट रस्तो अवजड म्हालयेरादारी वाहनांक बंद दवरपाचो आदेश**

ता. 4 फेब्रुवारी 2022

चोर्ला घाट राज्य म्हामार्गार अपघातांनी वाड जाल्ल्यान उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिकाऱ्यान दत्तवाडी सांखळी जंक्शन, मुळावें भलायकी केंद्र, सांखळी जंक्शन आनी होंडा जंक्शन ते चोर्ला घाट रस्तो गोंय शिमे मेरेन अवजड म्हालयेरादारी वाहनांक (मल्टीएक्सेल वाहनां) 30 जून 2022 मेरेन बंद दवरपाचो आदेश जारी केला.

तशेंच रस्त्यार मदी बंद पडिल्ली वा अपघातांत सापडिल्ली वाहना ओडून कुशीक काडपा खातीर चोर्ला घाटाच्या मुळाक एक आनी गोंय शिमेच्या तोंकांक एक अवजड क्रेन दवरपाचो आदेश दिला. तशेंच चोर्ला घाट रस्त्यान अवजड म्हालयेरादारी वाहनांक प्रवेश बंद आशिल्ल्याची सुचोवणी दिवपी तकटे वयल्या जंक्शनांचेर तशेंच दोनीय वटेन चोर्ला घाटाच्या सुरवातीक लावपाचे निर्देश दिला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/95

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji